राष्ट्रीय खबरो १८.०९.२०२५ @ 8.40 am

1 प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मध्य प्रदेशांतल्या धारांतल्यान देशव्यापी स्वस्थ नारी, सशक्त परिवार अभियान आणि ८ व्या राष्ट्रीय पोषण माह शिबिराचो शुभारंभ केलो

२ प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदीनी त्यांच्या ७५ व्या वाढदिवसानिमित्त भारत आणि परदेशातल्यान मेळील्या शुभेच्छा, आशीर्वाद आणि संदेशांबद्दल कृतज्ञता व्यक्त केल्या.

3 संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज नवी दिल्लींत 'मंथन 2025' ह्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले.

4 आशिया टी-20 कपांत आयज युएईच्या अबू धाबींत अफगाणिस्तान आनी श्रीलंका हांचे मदीं गट बी मदीं म्हत्वाची मॅची जातली

PM 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मध्य प्रदेशांतल्या धारांतल्यान देशव्यापी स्वस्थ नारी, सशक्त परिवार अभियान आणि ८ व्या राष्ट्रीय पोषण माह शिबिराचो शुभारंभ केलो. तशेच देशांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या पीएम मित्र उद्यानाची बुन्याद घाली . मातृवंदना येवजणे खाला 15 लाखां वयर बायलांक अर्थीक मजत दिली. तशेंच राज्यांतल्या आदिवासी वाठारां खातीर आयोजीत केल्ल्या आदी सेवा पर्वाचें उक्तावण केलें. ह्या भलायकी शिबिरांनी बायलांनीस्वताची चांचणी करची, वेपाऱ्यांनी आपूण विकतात तें सगळें भारतीय आसा हाची खात्री करची असो उलो तांणी मारला.

पीएम बर्थडे 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींच्या 75व्या वाडदिसाची राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीक त्यांच्या वाढदिसानिमित्त निरंतर भलायके खातीर आणि खोशये खातीर शुभेच्छा दिल्या आणि आशा व्यक्त केली की त्यांचे दूरदर्शी फुडारपण देशाक प्रगती आणि समृद्धीची अभूतपूर्व उंचाय गाठपाक प्रेरित करतले.

केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी प्रधान मंत्र्यांक त्यांच्या ७५ व्या वाढदिसानिमित्त शुभेच्छा दितना  म्हणला  की प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हे आज जगातले सगळ्यात लोकप्रिय, परिवर्तनकारी आणि विश्वासार्ह फुडारी आसात.byte

PM 120

प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदीनी त्यांच्या ७५ व्या वाढदिवसानिमित्त भारत आणि परदेशातल्यान मेळील्या शुभेच्छा,  आशीर्वाद आणि संदेशांबद्दल कृतज्ञता व्यक्त केल्या. सोशल मीडियार एका पोस्टात प्रधान मंत्र्यानी म्हणला  की,  लोकांचो मोग तांका प्रेरणा दिता आणि बळ दिता. वेग वेगळ्या सामाजिक सेवा उपक्रम हातात घेतल्याबद्दल त्यांनी नागरिकांचे कौतुक केले आणि असे प्रयत्न समाजा भितरले  बरेपण प्रतिबिंबित करतात,  जे देशाक आशा आणि सकारात्मकतेनआव्हानांना तोंड दिवपाक मदत करतात अशे म्हणला. मोदींनी नमूद केले की लोकांचो तांचेवेलो विश्वास फक्त त्यांच्या खातीर वैयक्तिकरित्या आशीर्वाद न्हय तर विकसित राष्ट्र निर्माण करपाच्या सामूहिक ध्येया .खातीर आसा. विकसित भारताच्या ध्येयाखातीर त्यांनी अधिक ऊर्जा आणि भक्तीन काम करत रावपाची प्रतिज्ञा केली. ताणी सगळ्यांच्या बऱ्या भलायके खातीर आणि कल्याणा खातीर प्रार्थना केली आनी म्हणले की,  जरी ते वैयक्तिकरित्या प्रतिसाद दिवंक शकना तरी,  लोकांनी दाखयल्या मोगान त्यांच्या काळजाक खोल स्पर्श केला .

राजनाथ  50

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज नवी दिल्लींत ‘मंथन 2025’ ह्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले. ‘विकसीत भारत @2047’ ह्या धोरणात्मक रोडमॅपच्या मध्यवर्ती विषयार संरक्षण संचालनालयान ही परिशद घडोवन हाडल्या. संरक्षण जमीन व्यवस्थापनाची पुनरकल्पना, प्रगत डिजिटल साधनां आनी तंत्रगिन्यानाचो वापर, आनी प्रशासन चौकट आनी टिकावूपण घटमूट करपाक संरक्षण भूंय खात्याची विकसीत जावपी भुमिका हांचेर लक्ष केंद्रीत करतले.

शाह 40

भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज रोहतास, बेगूसराय आनी बिहारांतल्या हेर जिल्ह्यांनी पक्षाच्या पदाधिकाऱ्यां कडेन बसका घेतले. केंद्रीय गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय, भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष डॉ.दिलीप जायसवाल, उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी आनी विजय कुमार सिन्हा आनी जायते वरिश्ठ फुडारी हांणी विमानतळार तांकां येवकार दिलो.

नड्डा 80

केंद्रीय मंत्री जे.पी. नड्डा हाणी देशभरातल्या नागरिकांक समाजाच्या कल्याणा खातीर समर्पित सेवा उपक्रम 'सेवा पखवाडा' त सक्रियपणान वाटेकार जावपाचे आवाहन केले. प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदीच्या जीवन प्रवासाचे प्रदर्शन करपी एका विशेष प्रदर्शनाचे नवी दिल्लीत उक्तावण करताना,नड्डा यांनी सेवा पखवाडा मजगती पाच दिस सददा किमान एक वर स्वच्छता मोहिमेक समर्पित करपाचे आवाहन केले. मोदींच्या ७५ व्या वाढदिसानिमित्त, नड्डा हाणी म्हळे की हे प्रदर्शन प्रधान मंत्री मोदींच्या आयुष्यातले महत्त्वाचे टप्पे, त्यांच्या सेवेच्या सुरुवातीच्या काळापासून ते देशाचे प्रधान मंत्री म्हणून त्यांच्या नेतृत्वापर्यंतच्या प्रवासार उजवाड घालता .

GST ५0

next gen gst सुदारणांक लागून कापड उद्देगाचेर व्हड कर उणे करून सामान्य मनशावेलो अर्थीक भार उणो केला. मनशान तयार केल्ल्या तंतूचेर जीएसटी दर 18 टक्क्यां वयल्यान 5 टक्क्यांनी देंवला. मानवनिर्मित तंतूंचेर जीएसटी 12 टक्क्यांवयल्यान 5 टक्क्यांनी उणो केला. कापड क्षेत्रांतल्या ह्या सुसूत्रीकरणाक लागून खर्च उणो जातलो, मागणी वाडटली आनी निर्यातीक चालना मेल्तली अशी अपेक्षा आसा.

वैष्णव 20

जानेवारी २०२२ त सेमी कंडक्टर मिशन सुरु केले. आज 10 युनीटा सुरु जातात ह्या विशी मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी माहिती दिली byte

शिपयार्ड 70

गोवा शिपयार्ड लिमिटेड (जीएसएल), एक प्रमुख संरक्षण भौशिक क्षेत्रातील उपक्रम, पयलो वाचन समारंभ आणि आयसीजीएस अक्षर (यार्ड १२७६) च्या औपचारिक हस्तांतरणासयत आणिक एक महत्त्वाचो पावडो गाठला - सरकारच्या आत्मनिर्भर भारत अभियानांतर्गत भारतीय तटरक्षक दलासाठी बांधपी आठ अत्याधुनिक जलद गस्त जहाजांच्या (एफपीव्ही) प्रतिष्ठित मालिकेतील हे दुसरे जहाज आसा

ह्या सुवाळ्याक अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक, ब्रजेश कुमार उपाध्याय, आरएडीएम नेल्सन डी'सोझा, डीआयजी व्ही. परमार, आनी कमांडंट शुभेन्दु चक्रवर्ती, कमांडिंग ऑफिसर, आयसीजीएस अक्षर आनी भारतीय दर्यादेग राखणेचे हेर वरिश्ठ अधिकारी अशील्ले

बीएसएनएल 50

पूराय भारतात बीएसएनएलची मोबाइल कनेक्टिव्हिटी वाडोवपाक टपाल विभाग (डीओपी) आणि भारत संचार निगम लिमिटेड (बीएसएनएल) हाणी नवी दिल्लीत एक सामंजस्य करार केला. या समजीकायच्या कबलात केला जाचो उद्देश डिजिटल फरक कमी करप, ग्रामीण कुटुंबांक मोबाइल सेवां सयत सक्षम करप आणि आर्थिक समावेशन आणि सामाजिक-आर्थिक विकासाखातीर डिजिटल इंडियाची व्यापक उद्दिश्टां साध्य करप आसा.

वेदर 40

भारतिय हवामान खात्यान अरुणाचल प्रदेश, बिहार, उदेंत उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगा काय सुवातिनी पावस पडपाचो अदमास काडला. हवामान खात्यान गुजरात, कर्नाटक, गोंय, लक्षद्वीप, मध्य प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा, तेलंगणा आनी उत्तराखंड हागाय गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास काडला.

स्पोर्ट्स 40

आशिया टी-20 कपांत आयज युएईच्या अबू धाबींत अफगाणिस्तान आनी श्रीलंका हांचे मदीं गट बी मदीं म्हत्वाची मॅची जातली. ही मॅच रातच्या 8 वरांचेर सुरू जातली.

1 प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मध्य प्रदेशांतल्या धारांतल्यान देशव्यापी स्वस्थ नारी, सशक्त परिवार अभियान आणि ८ व्या राष्ट्रीय पोषण माह शिबिराचो शुभारंभ केलो

२ प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदीनी त्यांच्या ७५ व्या वाढदिवसानिमित्त भारत आणि परदेशातल्यान मेळील्या शुभेच्छा, आशीर्वाद आणि संदेशांबद्दल कृतज्ञता व्यक्त केल्या.

3 संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज नवी दिल्लींत 'मंथन 2025' ह्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतले.

4 आशिया टी-20 कपांत आयज युएईच्या अबू धाबींत अफगाणिस्तान आनी श्रीलंका हांचे मदीं गट बी मदीं म्हत्वाची मॅची जातली